# <u>सरकार नवीन गोंय स्टार्टअप धोरण 2020 चालीक लायतलें</u>

ता. 4 जुलय 2020

गोंय सरकार रोखडेच नवीन स्टार्टअप धोरण 2020 चालीक लावपाचे आसा. स्टार्टअप, स्पिडअप आनी स्केलअप हो नव्या धोरणाचो मंत्र आसा. स्टार्टअपच्या दृश्टीन सर्वसमावेशक गजालींचो विचार करून नवीन गोंय स्टार्टअप धोरणाचो मसुदो तयार केल्लो आसा. सध्याच्या कोवीड संसर्गाच्या परिस्थितीक लागून कांय साधनांचेर मर्यादा आयिल्ली आसली तरी स्टार्टअप मळाचेर कांय नव्यां संदीखातीर पर्याय उकते जाल्ले आसात. आयच्या परिस्थितीक लागून सरकाराच्याय मुखार कांय प्रस्न निर्माण जाल्ले आसात. गोंय सरकारान राज्यांत स्टार्टअपाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर स्थापन केल्लो स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग नव्यों संदी निर्माण करपा खातीर सतत काम करीत आसा.

आयच्या महामारीच्या परिस्थितीत ह्या विभागान नवीन गोंय स्टार्टअप धोरणाचो मसुदो तयार करपाचे काम सुरू केले. स्टार्टअप्स, गुंतवणुकदार, संबंदीत सरकारी खातीं आनी राज्य सरकाराकडेन सल्लामसलत करून नवीन स्टार्टअप धोरणाचो मसुदो तयार करपा सुरूवात केली. स्टार्टअप इंडिया आनी उद्देग आनी वेपार प्रोत्साहन विभागाचोय सक्रीय वाटो हो मसुदो तयार करपात आसा. सध्याच्या 2017 स्टार्टअप धोरणातल्या गजालींचो अभ्यास करून जाय थंय नवीन गजालींचो आसपाव केला. तशेंय गोंयच्या स्टार्टअपांनी केल्ल्यों सुचोवण्यों आनी पर्यावरणीय अनुकुलतेचोय विचार केल्लो आसा.

नवीन गोंय स्टार्टअप धोरण 2020 चो मसुदो Goa Online Portal चेर अपलोड करतले आनी सगळ्यां कडल्यान धोरणाचेर सुचोवण्यों करपाक प्रोत्साहन दितले, अशें म्हायती तंत्रज्ञान खात्याच्यो संचालीका आयएएस कु. अंकीता आनंद हांणी सांगला. तशेंच गोंयाखातीर हालीच सुरू केल्ल्या MyGov.in ऑनलायनीचेर पोस्ट करपात येतलो.

संस्थांचे पाठबळ आनी रचणुक, आर्थिक पाठबळ आनी मार्ग, कुशळतायेक वाव, शिक्षण आनी कुशळताय विकास आनी वैचारिक फुडारपण ह्यो पाच गजाली गोंय स्टार्टअप धोरण 2020 च्या मसुद्यात आसपावीत आसा. नवीन धोरण सर्वसमावेशक आसून महिला उद्देजक आनी सामाजीक वेवसायिकतेचेर खास भर दिल्लो आसा.

म्हायती तंत्रज्ञानमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात हांणी स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागाच्या कामाचेर सतत लक्ष दिवन स्टार्टअप डे कार्यक्रम घडोवन हाडले आनी ह्या

कर्यक्रमांक भरपूर सहभाग आनी प्रतिसाद मेळ्ळो. गोंय स्टार्टअप धोरणाचो मसुदो बेगीनात बेगीन तयार करपाच्या उद्देशान हे कार्यक्रम आयोजीत केल्ले. गोंय स्टार्टअप धोरणाच्या कार्यक्रमा वरवीं संवसारभरातल्या अनिवासी भारतीयांकडेन संपर्क करून आमच्या स्टार्टअपाक प्रोत्साहन दिवपाक मेळटले.

म्हायती तंत्रज्ञान सचिव आयएएस श्री. संजय कुमार हे विद्यार्थ्यांमदी उद्देजकताय आनी इनोवेशन कुशळताय वाडोवपा खातीर स्टार्टअप प्रोत्साहन विभागाक उर्बा दितात. महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांक नवीन संकल्पना आनी कुशळतायेखातीर प्रोत्साहन दिवपात येता. ते खातीर हॅकाथोन सारखे कार्यक्रम आय़ोजीत करून विद्यार्थ्यांक आपली कुशळताय दाखोवपा खातीर माची उपलब्ध करून दिवपाची ह्या विभागाची येवजण आसा. नवीन गोंय स्टार्टअप धोरण 2020 खातीर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला उच्चाधिकार समिती नेमील्ली आसा . उच्चाधिकार समितीच्या निर्देशाप्रमाण स्टार्टअप प्रोत्साहन विभाग काम करता. गोंयात स्टार्टअप मळार गुंतवणुकदारांचे जाळे निर्माण करपात येतले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/361

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA